**राज्यपालान तीन मंत्र्यांक सोपूत दिलो**

ता. 9 एप्रिल 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनातल्या दरबार हॉलांत आयोजीत सुवाळ्यात श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदीन ढवळीकर, श्री. सुभाष फळदेसाय आनी श्री. नीळकंठ हळर्णकर ह्या तीन मंत्र्यांक पद आनी गोपनियतेचो सोपूत दिलो.

मुख्य सचीव पुनित कुमार गोयल हांणी मंत्र्यांच्या नेमणूकेचो आदेश वाचलो.

सोपूतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. रमेश तवडकर, मंत्री श्री. निलेश काब्राल, श्री. सुभाष शिरोडकर, श्री. रोहन खंवटे आनी श्री. आंतानासियो मोन्सेरात, राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुळकर, आमदार श्री. जीत आरोलकर, श्री. उल्हास तुयेंकर, श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, श्रीमती दिव्या राणे, श्री. जोशुआ डिसौझा, डॉ. चंद्रकांत शेट्ये आनी श्री. कार्लोस आल्वारिस, सरकारी सचीव आनी अधिकारी उपस्थितीत आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/240

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji